# <u>पोरणें गोंय फेस्ता निमतान येरादारेचीं वेवस्था</u>

20 नोव्हेंबर 2023

24 नोव्हेंबर तें 3 डिसेंबर मजगतीं जावपी पोरणें गोयांतल्या सेंट फ्रान्सिस झेवियर्साचीं नोव्हेनां आनी फेस्ता निमतान उत्तर गोंय जिल्हो न्याय दंडाधिकाऱ्यान येरादारी आनी पार्किंग वेवस्थेत  बदल केल्यात.

पणजेच्यान पोरणें गोंयांत वचपी प्रवाशांक रायबंदरच्या मार्गान खासा बशी आसतल्यो. ह्यो खाशेल्यो बशी रायबंदरच्यान  पोरणें गोंयांतल्या धेंपो इंजिनियरिंगां कडेन पावतकच पार्किंग करपा खातीर भाकिया प्रॉपर्टींत भितर सरपाक डावे वटेन वळतल्यो. दोन चाकी आनी चार चाकी वाहनांय पोरणें गोंयांतल्या धेंपो इंजिनियरिंगांत पावतकच डावे वटेन वळून पार्किंग करपा खातीर भकिया प्रॉपर्टींत भितर सरतली. दिव्यांगांक  व्हरपी वाहनांक पोरणें गोंय इगर्जेच्या जंक्शना मेरेन येवन जीटीडीसी पार्किंगांत आनी पोरणें गोंय पंचायती लागीं सुलभ सौचालयाच्या सामकार आशिल्ल्या उक्त्या सुवातेर आपली वाहनां उबीं करपाक मेळटलीं. तेच प्रमाण भकिया प्रॉपर्टी, जीटीडीसी पार्किंगांत आनी पोरणें गोंय पंचायती लागीं सुलभ शौचालयाच्या मुखार उक्त्या सुवातेर पार्किंग केल्ल्या वाहनांनी परत पणजे वतना रायबंदर मार्गाचोच वापर करचो.

पणजेच्यान  फोंडें वचपी येरादारी कदंब बाय पास रस्त्यान वळयतले. कदंबा बायपास मार्गांन पोरणें गोंय मेरेन वचपी दोन चाकी आनी चार चाकी वाहनांची येरादारी कामत गॅस स्टेशन जंक्शनाचेर पावतकच सांता मोनिका कॉन्व्हेंटाचे डावे वटेन वळटली आनी सेंट आगुस्तीन टॉवर जंक्शनाचेर पावतकच परत डावे वटेन वळून  हॅबिटॅट जंक्शनाचेर पावतकच परत डावे वटेन वळून  धेंपो इंजिनियरिंगां कडेन पावतकच पार्किंगे खातीर भकिया प्रॉपर्टींत भितर सरपाक डावें वटेन वळचें. सगळीं जड आनी मध्यम वाहनां कदंबा बाय-पास एनएच-748 वरवीं वळयतले. कदंब बाय-पासाक सांतान इगर्जेक जोडपी नवो रस्तो कदंब बाय-पास तें सांतान इगर्जे मेरेन वन - वे आसतलो. तेच प्रमाण दोनूय वटांनी म्हळ्यार सांतान इगर्जे कडल्यान आनी कदंब बाय-पासांतल्यान मध्यम आनी जड वाहनां खातीर प्रवेश आसचो ना. शेनवार, आयतार आनी फेस्ताच्या दिसा पोरणें गोंयांतल्यान जड आनी मध्यम माल येरादारी करपी वाहनां एनएच-66 वयल्यान करासवाडा जंक्शनाचेर आनी एनएच-748चेर बाणस्तारी जंक्शनाचेर वळोवन आमोणे पुला वयल्यान वतली.

दक्षिण गोंयच्या वाहनां खातीर पिलार ते पोरणें गोंय रस्तो वन-वे आसतलो. पोरणें गोंयांतल्यान नेवरा मार्गान वचपाक मेळचें ना. सगळ्यां वाहनांनी मेरशे हांगा एनएच-748 वरवीं भायर सरचें वा हलक्या वाहनांनी सांतान इगर्जे कडेन वचपी नव्या रस्त्या वरवीं भायर सरूं येता. दक्षिण गोंयच्यान येवपी चार चाकी वाहनांक ऍला फार्म गेटी मेरेन येवंक मेळटले .तें ऍला फार्माच्या गेटीं भितर,ऍला फार्म फिल्ड,पशुपालन आनी पशुवैजकी सेवा कार्यालयाच्या उक्त्या सुवातेर पार्क करतले. दोन चाकी गाडयो नेवरा जंक्शना पयलीं आशिल्ल्या खाजगी सुवातेंत तशेंच बॉम जिजस बॅसिलिकाच्या फाटल्यान पार्क करपाक मेळटलीं. दक्षीण गोंयांतल्यान येवपी बशी नेवरा मार्गान ऍला फार्माचे मेन गेटी कडल्यान दावे वटेन वचून कुंकळ्ळकार स्कूल मैदाना कडल्या बस स्टॅण्डार येतली आनी फुडें वचपा खातीर एनएच-748 वयल्यान भायर सरतली.

फोंडें सावन येवपी दुचाकी आनी चार चाकी वाहनां पिन्टो गॅरेजी कडल्यान दावे वटेन वचून गॅरेजी फाटल्यान पार्क करपाक मेळटलीं. परत फोंड्यां वचपा खातीर दुचाकी आनी चार चाकी वाहनांनी तोच मार्ग वापरचो. फोंडें सावन पणजे वचपी येरेदारीं पोरणे गोंयच्या दरगाह जंक्शना लागीं पावतकच रेल्वेफ्लाय ओव्हरा वयल्यान कदंब बायपास (एनएच-748) मार्गान वतलीं. फोंडें ते पणजे मार्गा वयल्या बशींक पोरणे

गोंय चर्च कॉम्प्लेक्स मार्गान फुडें वचपाक मेळचें ना. त्याबदला,कदंब बाय-पास (एनएच-७४८) मार्गान फुडें वचपा खातीर दर्गा जंक्शनाचेर वळयतलें. फोंडें वटेन येवपी जड वाहनां करासवाडा हांगा एनएच-६६ क मेळपा खातीर आमोण्या पूला मार्गान बाणस्तारी जंक्शना कडेन वळयतलें. आदले आमदार श्री पांडुरंग मडकयकार हांच्या घरां वरवीं चर्च जंक्शन तें पोरणें गोंय पोलीस स्टेशन दरम्यानचो रस्ता वन-वे जातलो. आदले आमदार श्री पांडुरंग मडकयकार हांच्या घरां कडल्यान पोरणें गोंय पोलीस स्टेशना कडेन वचपा खातीर चर्च जंक्शन सावन खंयच्याच वाहनाक उजव्या वटेन वळण घेवपाक मेळचें ना.

दिवाडी सावन पोरणें गोंयां येवपी वाहनां व्हाईसरॉयाच्या कमानीतल्यान फुडें वतली आनी सेंट कॅजिटन चर्चीच्या आवारांत पार्क करपाक मेळटलीं. दिवाडी सावन येवपी वाहना व्हाईसरॉयाच्या आर्च आनी आर्च ऑफ कन्सेप्शना वरवीं फोंडें आनी पणजे वतली. दिवाडेक वचपाक सोदपी फोंडें वटेतलीं वाहनां नेवरा जंक्शन हांगा उजव्या वटेन वळटलीं आनी पोरणे गोंय मुख्य जंक्शन मार्गान दिवाडी फेरी कडेन वतली. गवंडाळीच्यान येवपी वाहनां रमेश नायक हांच्या घरा कडल्यान दिवाडी जेटी कडेन वतलीं.

पणजेच्यान रायबंदर मार्गान दिवाडेक वचपा खातीर येवपी वाहनां पोरणें गोंय चर्च जंक्शन हांगा डावे वटेन वळून सेंट कॅथेरीन चॅपेला कडेन वतलीं आनी त्या उपरांत दिवाडी जेटीर वचपा खातीर नव्या बाय-लेनीन डाव्यान वळटलें. गवंडाळी रोडाक मेळपी आर्च ऑफ कन्सेप्शन लेन नो एन्ट्री असतली. पोरणें गोंय चर्च जंक्शन तें दिवाडी फेरी मार्गान सेंट कॅथरीन चॅपेला कडेन वचपी रस्तो वन-वे करतलें. जड आनी मध्यम वाहनांक दिवाडी फेरी क्रॉस करपाक मेळची ना. असली सगळीं वाहनां दिवाडेत प्रवेश करपा खातीर आनी भायर सरपा खातीर रायबंदर फेरीचो वापर करतलीं.

वाहनां खातीर पार्किंगाच्यो जागो सकयल दिल्ल्या प्रमाणे असतल्यो, पणजी सावन रायबंदर मार्गान येवपी दुचाकी आनी चारचाकी वाहनां भाकिया प्रॉपर्टी हांगा पार्क करतले. पणजी सावन नव्या कदंबा बाय-पास (NH-748) मार्गान येवपी वाहनां सेंट आगुस्तीन टॉवर जंक्शना लागीं डावे वटेन घेवन भाकिया प्रॉपर्टी हांगा पार्किंगा खातीर फुडें वचपाक कामत गॅस स्टेशना लागीं वळयतलें. दक्षिण गोंयांतल्यान येवपी दुचाकी आनी चारचाकी वाहनां ऍला फार्म हांगा, पशुसंवर्धन परिसर आनी नेवरा जंक्शना लागीं महामार्गाच्या दोनूय वटेन उकत्या सुवातेर पार्क करतलें. नेवरा जंक्शना पयलीं आसलेल्या खाजगी मालमत्तेत लेगीत दुचाक्यो पार्क केल्यार जाता.फोंड्यां वटेन येवपी दुचाकी वा चारचाकी वाहनां पिंटो गॅरेजी लागीं उकत्या मैदानात पार्क करतलें. आदले आमदाराच्या घरा मुखार रावपी श्री. कुलासो आनी श्री सिकेरा हांच्या मालकेच्या दोन उकत्या प्लॉट्सांचेर लेगीत दुचाक्यो पार्क केल्यार जाता. दिवाडी फेरयेन येवपी दुचाकी वा चारचाकी वाहनां सेंट कॅजिटन चर्चीच्या आवारांत पार्क करतलें. पाद्रींनी आपली वाहनां बॅसिलिका ऑफ बॉम जिझसाच्या फाटीं आशिल्ल्या कंपावंडात जाल्यार चर्च स्वयंसेवकांची वाहनां सुलभ सौचालयाच्या फाटीं आशिल्ल्या डांबरी पार्किंग वाठारात पार्क करचीं. बस स्टॅण्डसकयल दिल्ल्या प्रमाण आसात, रायबंदर रस्त्यान येवपी पणजी-पोरणें गोंय बशी भकिया प्रॉपर्टींत आनी कदंब रस्त्या वयल्यान पणजी पोरणें गोंय बशी आदले आमदार श्री पांडुरंग मडकईकर हांच्या घराच्या फाटल्यान नव्या 4 लेन रस्त्या कुशीक. दक्षिण गोंय- पोरणें गोंय बशी कुंकळ्ळकार शाळा मैदानाचेर, फोंडें- पोरणें गोंय बशी हबर्ड फार्मां लागीं. भक्त/पर्यटकांच्यो बशी, आदले आमदार श्री पांडुरंग मडकईकर हांच्या घराच्या फाटल्यान कदंब बाय पास रस्त्या कडेच्या पार्किंग जागेत पार्क करच्यो.

पोरणें गोंय चर्च जंक्शन तें गांधी सर्कल दरम्यानचो रस्तो पुलीस, रुग्णवाहिका आनी उजो पालोवपी दळ हांची आपातकालीन वाहनां सोडल्यार हेर सगळ्या तर्येच्या वाहनां खातीर बंद

असतलो. पोरणें गोंय चर्च जंक्शना सावन सेंट कॅथरीन चॅपेल/आर्क ऑफ कॉन्सेप्शन/पेट्रोल पंम्प/ पोरणे गोंय पुलीस स्टेशन मार्गान आदल्या आमदाराच्या घरा मेरेन रिंग राउंड रोड तें पोरणें गोंय चर्च जंक्शन ह्ये पोरणें गोंय चर्च जंक्शन तें दिवाडी वटेन एकेरी मार्ग असतलो आनी ग्रामपंचायत पोरणें गोंय जंक्शन तें आदले आमदार श्री पांडुरंग मडकईकर हांच्या घराच्या दिकेन ‘नो एन्ट्री’ आसतलीं.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/892

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.